PANAJI NATIONAL 20.08.2026 @ 8.40 AM

- केंद्रीय मंत्रीमंडळान 13 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या पांच प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या अशे रेल्वे आणि म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लींत जपानचे समपदस्थ  शिंजिरो कोइझुमी हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले
- ज्या गिरायकां कडेन पयलींच णव सिम काड्र्स नोंदणीकृत आसात तांकां नवे मोबायल कनेक्शन दिवचे न्हय अशें दूरसंचार खात्यान दूरसंचार कंपनींक निर्देश दिला.
- एफआयएच हॉकी विश्वचषकांत आज भारतीय बायलांचो पंगड इंग्लंडा आड पूल डींत निमाणो खेल खेळटलो.

Ashwini

केंद्रीय मंत्रीमंडळान 13 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या पांच प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या; तातूंत चार रेल्वे प्रकल्प आनी एक म्हामार्ग प्रकल्प हांचो आस्पाव जाता. काल नवी दिल्लींत जाल्ले बसके उपरांत मिडियाक म्हायती दितना रेल्वे आणि म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, कि अस्तंत बंगाल, ओडिशा, तमिळनाडू आनी आंध्र प्रदेशांतल्या चार राज्यांच्या आठ जिल्ह्यांतल्या रेल्वेच्या चार मल्टी ट्रॅकिंग प्रकल्पांक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या अशें तांणी सांगलें.

तशेंच बिहारांतल्या राष्ट्रीय म्हामार्ग-22 च्या मुजफ्फरपूर-सीतामढ़ी-सोनबरसा मार्गाचेर  चार लेन म्हामार्गांत श्रेणीसुधार करपाक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या अशिय माहिती ताणी दिली

शह

केंद्रीय घर  मंत्री अमित शाह तीन दिसानच्या दौर्यार आज पश्चिमबंगालक वटले आणि थय खूपशा प्रकल्पांचे उक्ताव्न करतले तशेच सीमावर्ती वाथारात  सुरक्षा वेव्स्थेचो आधावो घेतले आणि जिल्लो दांडाधीकारया वागडा महत्वची बसका घेतले

राजनाथ

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लींत जपानचे समपदस्थ  शिंजिरो कोइझुमी हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतले. हे बसकेंत द्विपक्षीय संरक्षण संबंद आनीक घटमूट  जावप  धोरणात्मक  विश्वास व  सहकार्य  वाडवप आनी इंडो-पॅसिफिक  वाठारांत स्थिरताय आनी सुरक्षा वाडटली अशी अपेक्षा आसा. दर्या सुरक्षा मळार खोलायेन सहकार दिवपा वांगडाच 'मेक इन इंडिया' खाला संरक्षण उपकरणां आनी तंत्रगिन्यानाच्या मळार लागींच्या  सहकार्य करपा विशीं दोनूय मंत्री चर्चा करतले. द्विपक्षीय संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्याक आनीक फुडें व्हरपा खातीर हे बसकेंत  एक  कृती येवजण तयार करपाची संद मेळटली अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें.

Summit

भारताच्या अर्थीक वाडीक आतां संवसारीक पांवड्यार मान्यताय मेळ्ळ्या अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले. नवी दिल्लींत उत्तर प्रदेश-जपान गुंतवणूक शिखर संमेलन 2026  त ते उलयताले. भारत आनी जपान हांचे मदलो संबंद फकत दोन देशांमदलो न्हय, तर दोन सभ्यतायेचो संगम दाखयता अशें केंद्रीय कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी ह्यावेळार उलेताना  म्हणले.

राजेश

संरक्षण सचीव राजेश कुमार सिंग  हाणी  आर्मेनियाची दोन दिसांची भोंवडी सोंपयल्या. हे भेटी वेळार तांणी आर्मेनियाचे उपसंरक्षण मंत्री कॅरन ब्रुट्यान आनी पयले  उपसंरक्षण मंत्री आनी आर्मेनियाचो जनरल स्टाफ मुखेल एडवर्ड असऱ्यान हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केल्यो. संरक्षण मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, संरक्षण आनी लश्करी-तंत्रीक क्षेत्रांतल्या चालू आशिल्ल्या सहकार्याच्या सगळ्या तासांचो आस्पाव ह्या चर्चांनी केल्लो, तातूंत क्षमता निर्माण करप, प्रशिक्षण, लश्करी-तंत्रीक सहकार आनी संरक्षण संशोधन आनी विकासाचेर खासा भर दिल्लो.

एसआयआर

दिल्लींत चालू आशिल्ल्या विशेष सखोल पुनरावलोकन' (SIR) प्रक्रियेअंतर्गत अर्ज सादर करपाची मुजत ह्या म्हयन्याचे 24 मेरेन वाडयल्या.

दिल्लीच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आतां सुदारीत वेळापत्रका प्रमाण ह्या म्हयन्याचे 31 तारखेक वेंचणूक नोंदीचो मसुदो उजवाडायतले. दावे आनी हरकत दाखल करपाची निमाणी तारीक फुडल्या म्हयन्याची 30 तारीक आसतली.

DOT

ज्या गिरायकां कडेन पयलींच णव सिम काड्स नोंदणीकृत आसात तांकां नवे मोबायल कनेक्शन दिवचे न्हय अशें दूरसंचार खात्यान दूरसंचार कंपनींक निर्देश दिला. एका अधिकृत परिपत्रका प्रामाण, विहित मर्यादेपेक्षा अधिक कनेक्शन्स घेवूंक शक्पी गिरायकांची ओळख पटवपाक आणि त्यांका अतिरिक्त सिम काड्स मेळपा पासत रोखपाक , २४ ऑगस्टपासून तांत्रिक आणि संस्थात्मक उपाययोजना अंमलात हाडपाक दूरसंचार सेवा पुरवठादारांक सांगला. हे खातीर दूरसंचार खात्यान कंपनींक 'डिजिटल इंटेलिजन्स प्लॅटफॉर्म' (डीआयपी) वापरपाचो निर्देश दिला. दूरसंचार कंपनींनी अपलोड केल्ली गिरायक म्हायती सयत हें प्लॅटफॉर्म उपलब्ध आसा; हातूंत पयलींच थारायिल्ले मर्यादे मेरेन पाविल्ल्या गिरायकांचोय तपशील आसपावीत आसा.23 ऑगस्ट सावन, थारायिल्ले मर्यादेचेर पावपी दरेका गिरायकाचो फोटो डीआयपीचेर उपलब्ध करतले. ह्या उपायांक लागून दूरसंचार कंपनींक अतिरिक्त मोबायल जोडणी सोदपी गिरायकांक वळखुपाक आनी थारायिल्ले मर्यादेचें उल्लंघन जावचें न्हय हाची खात्री करपाक मजत जातली अशें खात्यान सांगलां.

भारत दीस'

चार दिसांचो इंडिया डे' महोत्सव आयज मॉस्कोंत सुरू जाता. ह्या महोत्सवांत भारतीय आनी रशियन समाज एकठांय येवन संस्कृताय, परंपरा आनी लोका-लोकां मदले संबंद मनयतले. मॉस्कोच्या गोस्तिनी द्वोर' हांगा हो महोत्सव जातलो. "संस्कृतींचो एकवट - लोकांची इश्टागत" हे संकल्पनेचेर आदारीत ह्या महोत्सवांत वेगवेगळ्या सुवातींनी वेगवेगळे कार्यावळी आसतल्यो. सुमार 20 खाशेल्या विभागांच्या माध्यमातल्यान भोंवडेकारांक भारतीय संस्कृतायेचे वेगवेगळी तासा जशे की योग, बुद्धिबळ, भारतीय लग्न सुवाळे, नृत्य आणि आयुर्वेद यांसारख्या भारतीय संस्कृतीच्या वेगवेगळ्या तासांचो अनुभव घेवपाची संध मेळतली. रशियेंतली सुमार 75 योग संस्था आनी हेर देशांतले योग प्रशिक्षक ह्या महोत्सवांत वांटो घेवपाचे आसात. तशेंच २००परस अधिक भारतीय आणि रशियन नर्तक भारतीय नृत्याची विविधता आणि कलात्मक परंपरा दर्शवपी सादरीकरणांत वांटो घेतले.

ते भायर ‘कुकिंग मास्टरक्लास’ आनी अस्सल भारतीय पदार्थ आनी खाणां-जेवणाचीं उत्पादनां दिवपी रेस्टॉरंट आनी दुकानां वरवीं भारतीय खाणां-जेवण संस्कृतायेचो अणभव घेवपाचीय संद भेट दिवप्यांक मेळटली.

‘युवा संगम’

‘युवा संगम’ च्या सातव्या पावडया खातीर ऑनलायन नोंदणी करपाची निमाणी तारीक ह्या म्हयन्याचे 31 मेरेन वाडयल्या अशी म्हायती शिक्षण मंत्रालयान दिल्या. ह्या मुदतवाढीक लागून देशभरांतल्या पात्र तरणाट्यांक नोंदणी करपाची आनी ह्या खाशेल्या तरणाट्यांच्या युवा आदान-प्रदान कार्यावळींत वांटो घेवपाची अतिरिक्त संद मेळटली अशें मंत्रालयान सांगलां. हाचे आदीं ‘युवा संगम’ च्या सातव्या टप्प्या खातीर नोंदणी करपाची निमाणी तारीक 18 ऑगस्ट आशिल्ली. 18 ते 30 वर्सां पिरायेच्या गटांतले इत्सूक तरणाटे जातून उच्च शिक्षण संस्थांचे विद्यार्थी, एन एस एस स्वयंसेवक आनी तरणाटे वेवसायीक ‘युवा संगम’च्या अधिकृत पोर्टला वरवीं नोंदणी करूंक शकतात.

गडकरी

रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें कि , किफायतशीरपणा राखून उच्च मुळावी बांदावळ दिवप हें सरकाराचें मुखेल प्राधान्य आसा. मुळाव्या साधनसुविधा उदरगतीच्या गुणवत्तेबाबत क्सलीच तडजोड जावंक शकना हचेर तांणी भर दिलो. नवी दिल्लींत जाल्ल्या ‘बोगदे आनी पुल परिशद 2026’ च्या चवथ्या आवृत्तींत ते उलयतले म्हामार्गाच्या कामांचो उपकंत्राट दिवपा विशीं सध्याच्या तरतुदींचो मंत्रालय नियाळ घेतलें अशें तांणी सांगलें; जाका लागून कंत्राटी अटी खरपणान पाळटाले आनी कामाच्या दर्ज्याची आनी वेळार पुराय करपाची जापसालदारकी मुखेल कंत्राटदाराचेर उरतली हाची खात्री जातली अशे ताणी सांगले. मंत्रालय पयलींच कंत्राटदारांचें कामगिरीचेर आदारीत मूल्यांकन करता आनी आतां ही प्रक्रिया सविस्तर प्रकल्प अहवाल' (DPR) तयार करपी सल्लागारांमेरेन विसतारीत करपाक सुरवात केल्या

हॉकी

हॉकीत आयज एमस्टेलवीनच्या वॅगनर स्टेडियमांर जावपी एफआयएच हॉकी विश्वचषकांत भारतीय बायलांचो पंगड इंग्लंडा आड पूल डींत निमाणो खेल खेळटलो. मॅच सांजे 6:30 क सुरू जातली.

बीडब्ल्यूएफ

नवी दिल्लीच्या इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमांर सुरु संवसारीक बॅडमिंटन सर्तीच्या उपांत्यपूर्व फेरी आदीच्या फेरयेत आयज भारतीय खेळगडे मैदानात देवतले. बायलांच्या एकोडी सर्तींत भारताची पयली खेळगडी आनी आदली संवसारीक विजेती पी.व्ही. सिंधू चीनच्या तिसऱ्या मानांकित वांग झी यी आड खेल्तली. तेच प्रमाण दादल्यांच्या एकोडी सर्तींत भारतीय नवोदित खेळाडू आयुष शेट्टी आनी इंडोनेशियाचो 11वो मानांकित आल्वी फरहान हांचे मदीं खेल जातलो.

वेदर

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, उदेंत मध्य प्रदेश आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशा खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला. तशेंच फाल्यां मेरेन हिमाचल प्रदेश, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, बिहार, ओडिशा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तशेंच कर्नाटक, राजस्थान, झारखंड, केरळम, माहे आनी तमिळनाडूत दिसभरात विजांचो कडकडाट आणि नेटाच्या वाऱ्यांसयत वादळी पावसाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.